मुखेल खब्रो

आयटी युगात शिक्षण हे  फुडार घडोवपी महत्वाचे माध्यम आसा अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज्सावन गोंय, आनी कर्नाटक भोंवडेर आसात

गोवा चेंबर ऑफ कॉमर्स हांच्या वतीन दिवपी काशिनाथ दामोदर नायक प्राइड ऑफ गोवा पुरस्कार आयज मडगावत भेटयले.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणीच्या  'मन की बात' कार्यावळींतल्यान देशवासिया मुखार आपले विचार मान्द्तले.

आता पुराय खबरो

RASHMI 115

स्पर्धा परीक्षाखातीर गोंयच्या तरणाट्यांनी तयारी करची. शिक्षणाशिवाय आयच्या काळात पर्याय ना.शिकतलो तोच टीकतलो. आयटी युगात शिक्षण हे फुडार घडोवपी महत्वाचे माध्यम आसा अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. पर्वरे मराठा संकुलाच्या वास्तुचे उक्तावण केल्या उपरातं ते मुखेल सोयरे हया नात्यान उलयताले. युवा आनी महिला उद्देजक गोंयात चडान चड तयार जावचे, व्यसनमुक्त गोंय करपाक राज्यातल्या प्रत्येक सामाजान काम करचे अशे आवाहन मुखेलमंत्र्यान केला. शेतकी मळाक उर्बा दिवपाखातीर मुकार सरचे अशेय तांणी म्हणला. सासंकृतिक दायज, धार्मिक जतनाय करपाक जण एकल्यान जापसालदारीन वागचे अशे मुखेलमंत्र्यानी म्हळा.
Byte- cm
हयावेळार मंत्री सुभाश फळदेसाय, आमदार चेद्रकांत शेट्ये, उल्हास नायक तुयेकार, तशेचं हेर मराठा समाजातले मानेस्त, समाज बांधव हाजीर आशिल्ले.कार्यावळीची सुरुवात छत्रपती शिवाजी म्हाराजाच्या पुतळ्याक फुलांचो हार घालुन ढोल ताश्याच्या गरजरात जाले.

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू 27 आनी 28 डिसेंबराक गोंयांत येता. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू 27 ते 30 डिसेंबर मेरेन गोंय, कर्नाटक आनी झारखंड भोंवडेर आसात.आयज राष्ट्रपती

गोंयाक भेट दितल्यो . फाल्या 28 डिसेंबराक त्यो कर्नाटकांतल्या कारवारांत पाणबुडी सफारी कर्तल्यो. 29 आनी 30 डिसेंबराक झारखंडांतल्या वेगवेगळ्या सांस्कृतीक कार्यावळींक आनी 'एनआयटी'च्या दीक्षांत सुवाळ्याक हाजीर रावून त्योमार्गदर्शनकरतल्यो.राश्ट्रपतीच्या गोंय भेटीच्या फाटभूंयेर गोंय येरादारी पुलीस विभागान ट्रॅफिक ॲडव्हायझरी जाहीर केल्या. हाका लागून दाबोळे विमानतळा सावन दोना पावला मेरेनच्या मार्गाचेर सगल्या प्रकारच्या वाहनां खातीर थारायिल्ल्या काळा खातीर येरादारी बंद आसतली. फकत आपत्कालीन वाहनांकच यो-वच करपाक मेळटलें.

येरादारी पुलिसांच्या म्हणण्या प्रमाण, राष्ट्रपती आयज सांजवेळार दाबोळे विमानतळा वयल्यान दोना पावला मेरेन वतल्यो आनी फाल्या सकाळीं दाबोळे विमानतळार परतून वतल्यो . ह्या प्रवासा वेळार चिखली, कुठ्ठाळी, नवो जुआरी पूल आनी बांबोळे मार्गार दाबोळे ते दोना पावला रस्तो आजय काय वेलाखातीर बंद आसतलो जाल्यार फाल्या सकाळीं 7:30 ते 9:30 मेरेन बंद आसतलो. पूण ह्या काळांत एम्ब्युलन्स आनी हेर आपत्कालीन वाहनांक ह्या मार्गाचेर वचपाक मेकळीक आसातली.
प्रवाशांच्या येरादारिक आद्खळ जावची न्हय हे खातीर प्रशासनान कांय पर्यायी वेवस्था केल्या. वेर्णाच्या बिर्ला क्रॉस जंक्शना वयल्यान दाबोळे विमानतळा मेरेन वचपा खातीर प्रवाशांक राष्ट्रीय म्हामार्ग 566 चो वापर करपाक सांगलां. तशेंच व्हीव्हीआयपी मार्गाचेर वाहनां उबीं करचीं न्हय अशी सुचोवणी दिल्या आनी वेगवेगळ्या सुवातेर येरादारी नियंत्रीत करून वळयतले. सुरक्षीत येरादारी खातीर पुलीस दळाक पुराय सहकार्य करचे असो उलो अधीक्षक (येरादारी) कार्यालयान केलां.

सुशांत ५५

गोवा चेंबर ऑफ कॉमर्स हांच्या वतीन दिवपी काशिनाथ दामोदर नायक प्राइड ऑफ गोवा पुरस्कार आज गोयांतल्यो उद्योजिका अंजू तिंबलो आणि भारतीय अमेरिकन उद्योगपती सचिन लवंदे हांका भेटयले. गोवा चेंबर ऑफ कॉमर्सची प्रतिमा धोंड आणि काशिनाथ दामोदर नायक ट्रस्टचे अध्यक्ष दत्ता दामोदर नायक हांच्या हस्तुकी हे पुरस्कार भेटयले. हो सुवाळो मडगावच्या गोमंत विद्या निकेतनच्या फोमेंतो सभाघरात जालो.

११५ रश्मी

पर्वरी उड्डाण पुलाच्या कामा खातीर 2 जानेवारी ते 2 मार्च 2026 ओडीपी रस्तो ते दामियान दी गोवा तशेंच कदंब हॉटेल ते ओ कोकेरो जंक्शना मेरेनचो रस्तो येरादारी खातीर बंद आसतलो. ह्या वेळार पर्यायी मार्गान येरादारी वळयतले. उत्तर गोंय जिल्होधिकारी अंकीत यादव हांणी  हे संबंदी आदेश जारी केलो.गिरवडे वटेन नवो ओडपी रस्तो ते दामियान दी गोवा आनी पर्वरी वटेन कदंब हॉटेल ते ओ कोकेरो मेरेन ह्या म्हामार्गाचे दोन भाग बंद दवरतले जाल्यार उरिल्ले भागांत येरादारी चालू आसतली. येरादारी घुंवडावपा खातीर जे रस्ते प्रस्तावीत केल्यात ते येरादारी करपाचे स्थितींत आशचे आनी पुराय रस्तो भर उजावाडाची वेवस्था करची. तशेंच रस्त्या कुशीची झुडपा काडून उडोवची आनी रस्त्या वयल्या लायटींच्या वायरींची उंचाय सारखी आसा काय ना हे सुनिश्चित करचे, अशे निर्देश आदेशात दिला.

रश्मी 45

आयज आनी फाल्या पर्वरी  वाठारात  मर्यादित वेळात  उदका पुरवण जातली.म्हापसा धुळेर हांगाच्या उदका संसाधन खात्याच्या 1200 मिमी. पायपलायन इबाडिल्लान हो प्रस्न उप्रासला.ह्या पायपलायनीवरवी पर्वरी आशिल्लया 15 एमएलडी  उदकाच्या टाकयेक शुध्दीकरणाखातीर  कच्चे उदक  पुरवण जाता. पायपलायनीचे काम सुरु आशिल्लयान उदका पुरण मर्यादित वेळेत जातली अशे जलस्त्रोत खात्यान कळीत केला.

जाण 8५

ओंदू वर्सा राज्यातले रस्तो अपघात १२ टक्क्यांनी उणे जाल्यात जाल्यार अपघातात मरण येवप्यांचो आंकडो सुमार ६ टक्क्यांनी देवलां अशी म्हायती येरादारी पुलीसांनी दिल्या. पोरूं जानेवारी ते डिसेंबर मेरेन राज्यांत २ हजार ६३६ अपघात जाल्ले त्या मानान ओंदू त्याच काळात अपघाताचो आंकडो उणो जावन २ हजार ३१७ इतलो जालो. ह्या अपघातांनी पोरूं २७७ जाणांक जीव वगडावचो पडिल्लो जाल्यार ओंदू हो आंकडो देवून २६१ इतलो जाला. वाहन चालकांमदी शिस्त येवंची तशेंच रस्तो वापर करपी सगल्यांनी जबाबदारपणान वागत जाल्यार रस्ते अपघात उणें जांव येता असो हावेस गोंय येरादारी पुलीसांनी उक्तायला.

राजेश ५५

रवींद्र भवन साखळी हाणीं मास्टर दिनानाथ मंगेशकर जयंती निमित्तान 31 डिसेंबर 2025 या दिसा सांजवेळ 7:30 वरांचेर शास्त्रीय गायनाची कार्यावळ आयोजित केल्या .हे कार्यवळीत आग्रा जयपूर घराण्याचे नामनेचे गायक डॉक्टर शशांक मक्तेदार आपले गायन सादर करतले. गोपाल प्रभू आणि अमर मोपकर हे तांका संगीतसाथ करतले.रसिकांनी हे कार्यवळीक हजर रावपाचे आवाहन साखळी रवींद्र भवन हाणीं केला.

७५

सम्राट क्लब दिवचल हाणीं सम्राट क्लबच्या नवीन सदस्यांखातीर सम्राट परिचय ही अभिनव कार्यावळ फाल्यां आयतार 28 डिसेंबराक साखळेच्या श्री राधाकृष्ण देवस्थानच्या गोकुळ सभागृहात आयोजित केला. हे कार्यावळीक क्लबच्या नवीन सदस्यांक स्वतःची ओळख तशेच सम्राट क्लबची ध्येय धोरणा हांची विशेष माहिती दिवपाखातीर सम्राट क्लबचे राज्य संचालक रवींद्र पणजीकर मुखेल सोयरे म्हुण हजर आसतले. त्यांचे सांगतान दिवचल सम्राट क्लबचे पदाधीकारी  हजर आसतले .सम्राट क्लबच्या नवीन सदस्यांनी हे कार्यावळीक वडा संकेन हजर रावचे अशें आवाहन दिवचल सम्राट क्लब हाणीं केला.

७५

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणीच्या  ‘मन की बात’ कार्यावळींतल्यान देशातल्य तशेच विदेशातल्या भारतीय लोक मुखार आपले विचार मान्द्तले.   आकाशवाणीच्या म्हयन्याळ्या मन की बात’ कार्यावळीचो हो 129वो वाटो आसा . हि कार्यावळ आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाचे पुराय air न्यूज संकेतथळ आनी न्यूजएनएअर मोबायल ॲपाचेर प्रसारीत जातली. तशेंच एअर न्यूज, डीडी न्यूज, पीएमओ आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलाचेर ताचे थेट प्रसारण जातलें. आकाशवाणीचेर हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडीच  प्रादेशिक भाशांनी हि कार्यावळ प्रसारीत जातली.

७५

गिरायक वेव्हार खात्याच्या मुखेल उपक्रमांमदल्या  एक  राष्ट्रीय गिरायक हेल्पलायनीन 31 मळावेल्या 45 कोटी रुपयांचो  परतावो दिवपाची  सुविधा दिल्या. फाटल्या आठ म्हयन्यांत हया

उपक्रमांतल्यान 67 हजारां वयर गिरायक कागाळींचे  निवारण केला अशी म्हायती गिरायक वेव्हार, अन्न आनी भौशीक वितरण मंत्रालयान दिल्या. खेरीज खटला दाखल करच्या पयलींच्या पांवड्यार कागाळींचे निवारणा खातीर देशभरांतल्या गिरायकां खातीर हि हेल्पलायन एकूच संपर्क बिंदू म्हणून उदेला अशेंय मंत्रालयान स्पष्ट  केलां. गिरायकांक टोल फ्री क्रमांक 1915 वरवीं 17 भाशांनी आपल्यो कागाळी नोंद करपाक मेळटात.

हवामान

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाणआयज पणजेत चडात चड तापमान३2.8औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे तापमान 19.5  औंश सेल्सिअस नोंद जाला.तशेच मुरगावात चडात चड तापमान३3 .औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे तापमान 19.5 औंश सेल्सिअस नोंद जाला . तशेच राज्यात हवामान  सुके  आसतले. हलके ते मध्यम प्रमाणात धुके पातळू येता अशे वेधशाळेन म्हणला

खेळ

जयपुरात जाल्या एलिट क गट खेळात गोयच्या पंगडांन हिमाचल प्रदेशाचे आठ धावण्यांनी जैत  जोडले

आता PARTUN EK FAVAT MUKHEL खबरो

आयटी युगात शिक्षण हे फुडार घडोवपी महत्वाचे माध्यम आसा अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज्सावन गोंय, आनी कर्नाटक भोंवडेर आसात

गोवा चेंबर ऑफ कॉमर्स हांच्या वतीन दिवपी काशिनाथ दामोदर नायक प्राइड ऑफ गोवा पुरस्कार आयज मडगावत भेटयले.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणीच्या 'मन की बात' कार्यावळींतल्यान देशवासिया मुखार आपले विचार मान्द्तले.

इत्ल्यान ह्यो खाब्रो सोपल्यो आमचे मुखावेले खब्रापत्र तुमका आईकुपाक मेलतले फाल्या सकाळी 7 जावव 25 मिनिता